Aakashwani Panaji National news 8.40 am 15th Feb 2026

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दिल्ली, हरियाणा, महाराष्ट्र आनी कर्नाटकांतल्या वेगवेगळ्या जिल्हयांचो आस्पाव आशिल्ल्या तीन मल्टीट्रॅकिंग प्रकल्पांक मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्यार रेल्वे मुळावी बांदावळ घटमूट जातली, रसद खर्च उणो जातलो आनी तरणाट्यांक नोकरी मेळपाची संद मेळटली अशे सांगलां. हैदराबाद-पणजी अर्थीक मार्गाचेर Gudebellur ते Mahabubnagar मेरेन राष्ट्रीय म्हामार्ग-167 रुंद करपाचो निर्णय घेतिल्ल्यान अर्थीक वाड जातली, रोजगार निर्माण जातलो आनी जिणेची सोय निर्माण जातली अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. गोहपूर आनी नुमालीगढ हांचे मदीं 4 लेन प्रवेश नियंत्रीत ग्रीनफील्ड कॉरिडोराकय मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या, तातूंत ब्रह्मपुत्रा खाला भारताचो पयलो उदकापोंदचो रस्तो-सह-रेल बोगदो आसपावीत आसा. ह्या परिवर्तनकारी प्रकल्पाक लागून जोडणी वाडटली, रसद खर्च उणो जातलो आनी पुराय आसाम आनी पुराय ईशान्य वाठारांत वाड जेटली अशे ताणी मुखार सांगले . नोएडा सेक्टर 142 ते वनस्पति उद्यान (नोयडा) मेरेन विस्तार मार्गाक मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या.

---------------------------------------------------

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल आसामांत 5,450 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केलें. फाटल्या 11 वर्सांत ईशान्येक 5.5 लाख कोटी रुपया परस चड पयशे वांटिल्ले आनी ह्या वाठारांतल्या मुळाव्या साधनसुविधा क्षेत्रांत अपूर्व उदरगत दिसून येता अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें.

---------------------------------------------------

सरकार माहिती तंत्रज्ञान, डेटा सेंटर्स आणि आर्टिफिशियल इंटेलिजेंस यासारख्या उदेत्या क्षेत्रांत पुद्दुचेरीतील तरणात्यां खातीर रोजगाराच्यो संधी निर्माण करपाचेर लक्ष केंद्रित करता अशे करैकल हांगा एका जाहीर सभेत उलयताना केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी सांगले. आंतरराष्ट्रीय वेपार संबंदांतल्यान नुस्तेमारांक जागतीक बाजारपेठेंत प्रवेश मेळोवपा खातीर पावलां उबारतात, जाका लागून तांच्या

उत्पादनांक बरो परतावो मेळटलो. झोहो सयत मुखेल सॉफ्टवेअर कंपनींनी पुडुचेरींत काम सुरू केल्ल्याचो उल्लेख तांणी केलो . तशेंच लॅपटॉप तयार करपाचो युनिट स्थापन केला, जो आपलीं उत्पादनां वेगवेगळ्या देशांनी निर्यात करपाची येवजण करता अशेंय तांणी सांगलें. केंद्रीय प्रदेशांत बंद जाल्लीं कापड गिरणीं परतून सुरू करपा खातीर अर्थीक मजत मेळ्ळ्या अशें शाह हांणी फुडें सांगलें. BYTE

-----------------------------------------------

काल म्यूनिक सुरक्षा परिशदेच्या फाटभुयेर विदेश वेव्हार  मंत्री dr s जयशंकर हांणी जर्मनीचे विदेश वेव्हार मंत्री जोहान वाडेफुल हांचे वांगडा द्विपक्षीय बसका घेतली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मंत्री जयशंकर हांणी बसके वेळार दोनूय वटांनी वेगवेगळ्या वाठारातल्यान  सहकार्याच्या प्रगतीचें मुल्यांकन केलें आनी प्रादेशिकविषयांचेर  चर्चा केली. तशेंच मंत्री जयशंकरानी  कॅनडाच्यो विदेश वेव्हार मंत्री अनिता आनंदाची भेट घेऊन  भारत-कॅनडा संबंदांत स्थिर प्रगती चालू आशिल्ल्याचे नमूद केलें . तशेंच चेक प्रजासत्ताकाचे उपप्रधानमंत्री आनी विदेश वेव्हार  मंत्री पेत्र फिआला हांचे कडेन मंत्री जयशंकर हांणी मेळून अर्थीक आनी संरक्षण सहकार घटमूट करपा विशीं चर्चा केली.

-----------------------------------------------

महाशिवरात्रिचो उत्सव आयज देशभर भक्ती आनी  उमेदीन मनयतात. ह्या दिसा  उपास, खाशेली प्रार्थना आनी देवळांनी रातभर उपासना करतात. हजारांनी भक्त यात्रेस्थळांचेर पवित्र बुडटी घेतात  आनी शांतताय आनी समृध्दी खातीर आशीर्वाद मागतात.

-----------------------------------------------

फुडल्या 3 वर्सांत रेल्वे 124 मल्टीमोडल कार्गो टर्मिनल तयार करतले अशें केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत रेल्वे सुदारणा-2026 विशीं पत्रकार परिशदेंत उलयतना मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें,कि  रेल्वे प्रवाशांचे स्वच्छ आनी नितळसाण प्रवास अणभवाक प्राधान्य दितले. तशेंच सिध्द ट्रॅक रेकॉर्ड आशिल्ल्या मुखेल सेवा पुरवणदारांकद्वे संपर्क करतले अशें तांणी सांगलें.BYTE

-----------------------------------------------

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी पीएम राहत  येवजण सुरू करपाक मान्यताय दिल्या. येवजणे खाला खंयच्याय वर्गाच्या रस्त्यार आशिल्ल्या दरेका पात्र रस्त्याच्या अपघात बळीक, अपघाताच्या तारखे सावन सात दिसांच्या काळा खातीर, दरेक बळीक एक लाख 50 हजार मेरेन रोख नासतना उपचार मेळपाचो हक्क आसतलो. रस्तो अपघाता उपरांत बेगोबेग वैजकी मजत मेळूंक नाशिल्ल्यान कोणाचोच जीव वचचो न्हय हाची खात्री करपा खातीर सरकाराची वचनबद्धताय ह्या निर्णयांतल्यान स्पश्ट जाता अशें रस्तो, येरादारी मंत्रालयान सांगलें. मंत्रालयान  मोटार वाहन अपघात निधी वरवीं हॉस्पिटलांक परतफेड करतले अशे सांगले .

-----------------------------------------------

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह भारताची पयली केंद्रीय बँक डिजिटल चलन आदारीत भौशीक वितरण पद्दत आयज गांधीनगरांतल्या महात्मा मंदिरांत सुरू करतले. गुजरात सरकाराच्या ह्या डिजिटल चलन उपक्रमांत अन्नधान्यांचें वितरण चड पारदर्शक करपाचो हेतू आसा. तशेंच ह्या कार्यावळींत धान्य एटीएम आनी राज्याचें अन्न सुरक्षा जाळें घटमूट करपा खातीर खाशेली पोशण मोहीम सुरू जातली.

-----------------------------------------------

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी काल जर्मनींतल्या म्युनिक शारांत Bavarian युरोपीय आनी आंतरराष्ट्रीय वेव्हार मंत्री Eric Beisswenger हांची भेट घेतली. अंदूं जानेवारींत जर्मन chancellor हालींच भारत भेटीच्या  वेळार दोनूय राज्यांचे द्विपक्षीय भागीदारीचेर चर्चा केल्या. तशेंच हालींच जाल्ल्या भारत-ईयू मुक्त व्यापार करारचेरूय तांणी चर्चा केली; आनी पाचवी आनी शाश्वत भागीदारी वरवीं  अर्थीक मार्ग सोदून काडले, आनी दोनूय देशांतल्यान  उद्देगांतल्या उत्तम पद्दतींचो आदान-प्रदान केलो.

-----------------------------------------------

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हाणी केंद्रीय अर्थसंकल्प 2026-27 ची तोखणाय केली आनी 2047 मेरेन 'विक्सित भारत' तयार करपाची ही एक घटमूट बुन्याद आसा अशें सांगलें.मुंबयंतल्या प्रसार माध्यमां कडेन 2026-

27 वर्साच्या अर्थसंकल्पाचेर चर्चा करपा खातीर पत्रकार परिशदेंत उलयतना गोयल हाणी अर्थीक वाड, मुळाव्या साधनसुविधांचो विस्तार आनी सगळ्या नागरिकां खातीर समावेशक उदरगतीचेर आदारिल्लो एक नकासो अशें वर्णन केलें.

-----------------------------------------------

केंद्रीय उद्देगीक सुरक्षा दळाची वंदे मातरम कोस्टल सायक्लोथॉन 2026 आयज सांजवेळा गोंयच्या चिकालीत पावतली. सायकल पंगड, मोर्मुगांव बंदर प्राधिकरणांत थांबचे पयलीं 182 किलोमीटर लांबायेचो मार्ग पुराय करतलो. ह्या वेळार मुख्यमंत्री, पुलीस महासंचालक आनी गोंयांतले हेर सीआयएसएफचे अधिकारी हाजीर आसतले आसा.

-----------------------------------------------

केंद्रीय गिरायक वेव्हार मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी भारत-अमेरिका द्विपक्षीय वेपार कराराक लागून भारताच्या कापड क्षेत्रा खातीर वाडपाचो नवो अध्याय उक्तो जातलो अशें सांगलें. सोशल मिडियाचेर मंत्र्यांनी , वेपार करारा वरवीं 113.76 अब्ज डॉलराच्या अमेरिकेच्याबाजारपेठेत प्रवेश वाडटा, जाका लागून व्हड दर उणावा वरवीं निर्यात स्पर्धात्मकताय सुदारता अशे सांगले . प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या काळांत साध्य जाल्लो हो मार्गदर्शक फातर, संवसारीक कापड शक्ती केंद्र जावपाचे दिकेन भारताचो प्रवास घटमूट करतलो हाचेर मंत्र्यांनी भर दिलो.

-----------------------------------------------

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 क्रिकेट विश्वकरंड सर्तींत आयज आर प्रेमदासा स्टेडियमाचेर भारत आनी पाकिस्ताना आड खेळ जातलो .भारतीय वेळा प्रमाण सांजवेळा 7 वरांचेर खेळ सुरू जावपाचो आसा. मजगती वेस्ट इंडीज , नेपाळा आड मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत सकाळीं 11 वरांचेर खेळटले.

-----------------------------------------------